Regional News

11.06.2025 @ 7.20 pm

गोंय विधानसभेचे पावसाळी अधिवेशन 22 जुलैय सावन सुरु जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या आयज जाल्या मंत्रिमंडळाच्या बसकेत गोंयचे दायज, सुवाती, थळा राखपाच्या धोरणाक मंजुरी मेळळया.ह्या धोरणावरवी गोंयंतल्यो सुमार 200 दायज, इतिहासिक आनी पुरातत्व महत्व आशिल्लया सुवांतीक आनी थळांक सुरक्षितताय आनी खासा आरक्षित सुवात म्हण दर्जो मेळटलो अशी म्हायीत मुखेलमंत्र्यान दिला. खेरीत म्हैसाळ पंचवाडी वाठारात उदक शुध्दीकरणाच्या 10 एमएलडी उदका प्रकल्पाक मान्यचाय दिवपाचो निर्णयुय मंत्रिमंडळाच्या बसकेत जाला. रान हक्काचे दावे निकालात काडपाखातीर नवो सर्वेयर नेमपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी मंत्रिमंडळाच्या बसके उपरांत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत दिल्या. हे शिवाय कंत्राटी पध्दतीचेंर गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयात कंत्राटी पध्दतीचेर दोतोरांची भरती, रान खात्यान वतीन बोंडला अभयारण्यात एक पशुवैद्यकीय दोतोर नेमप, चिंबल वाठारात प्रस्तावित युनिटी मॉलाच्या कामाची वर्क ओर्डर दिवपाक आयज मंत्रिमंडळात मंजुरी दिल्या तशेच मांद्रे मतदारसंघात 2 हजार चौखण मिटर जागा मसुंडभुय बांधपाक सुवात दिवपाचोय निर्णय ह्या बसकेत जाला.

देशांतल्या आदिवासी समाजाचो सर्वांगिण विकास करपाच्या उद्देशान भारत सरकारान धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान येवजण सुरू केल्या. केंद्र सरकाराच्या 17 मंत्रालयांच्या सहकार्यान आदिवासी समाजाच्या सर्वांगिण विकासा खातीर हे येवजणे खाला 25 उपक्रम राबयतात. हे अभियान देशांतली 25 राज्यां आनी 4 केंद्रशशित प्रदेशानी चालू आसा. धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान हे आदिवासी समाजाचो विकास आनी सशक्तिकरणा खातीर भारत सरकारान सुरू केल्लो उपक्रम आसा. आदिवासी समाजा मदल्या उणीवांची तफावत पयस करून समाजाच्या सामाजीक-आर्थिक विकासाक चालना दिवपाक शाश्वत आनी समावेशक फुडाराची बुन्याद घालप आनी विकसीत भारत 2047 चे व्हिजन पुर्ण करपाक हातभार लावप हो अभियानाचो उद्देश आसा.आदिवासी वाठारांतल्यो मुळाव्यो सुविधा, भलायकी, शिक्षण आनी उपजिवीका ह्या क्षेत्रातलो उणाव भरून काडपा खातीर धरती आभा जानजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियान सर्वसमावेशक उदरगत चालीक लायता. केंद्र सरकाराच्यो वेगवेगळयो येवजणयो एकठांय हाडून समग्र, शास्वत आनी सर्वसमावेशक वाड ह्या घटकांचो आस्पाव करून आदिवासी समुदायाचे उदरगतीचेर भर दिता.

हे येवजणे खाला आदिवासी समुदायांक सुरक्षीत घरां, नितळ पिवपाचे उदक, नितळसाण आनी भलायकीसुविधा ,दर्जेदार पुश्टीक आहार आनी शिक्षणीक सुविधां, लायट आनी सौर उर्जा सविधां, रस्ते, टेलेकॉम जोडणी आनी हेर येवजणांचो लाव दिवन तांच्या शाश्वत उदरनिर्वाहाची खात्री दितात.धरती आभा जनजातीय ग्राम उत्कर्ष अभियानाविशीं आदिवासी समाजामदी जागृताय करपा खातीर उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी कार्यालया वतीन 15 ते 30 जून 2025 मेरेन जागृताय कार्यावळीचें आयोजन करतले.

रेल

फुडल्या म्हयन्याच्या 1 तारके सावन IRCTC च्या संकेतथळा वरवीं आनी ॲपा वरवीं आधारा कडेन आपले खातें प्रमाणीत केल्ल्या वापरप्यांकच तात्काळ तिकीट ऑनलायन बुक करपाक मेळटली अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलां. तात्काळ तिकीटांची निष्पक्ष आनी पारदर्शक उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर आनी प्रवाशांचें हितसंबंद राखपा खातीर हें पावल उबारलां. नव्या येवजणे प्रमाण अंदू 15 जुलय सावन ऑनलायन तात्काळ बुकींग खातीर आधार आदारीत ओटीपी प्रमाणीकरण सक्तीचें थारतलें.

सावयकार

केंद्र सरकारच्या अकरा वरसा पुराय जावपाच्या फाटभुयेर आदले खासदार नरेंद्र सावयकार हाणी आपले विचार व्यक्त केले

योग

२१ जूनाक जावपी आंतरराष्ट्रीय योग दिस २०२५ च्या पूर्वसंध्येक आज नवी दिल्लीत आकाशवाणी रंग भवन हांगा "कार्यस्थळार योग" कार्यशाळेचे आयोजन केल्ले. या सत्राचे अध्यक्षपदार डॉ. पुनीत चतुर्वेदी, सहाय्यक प्राध्यापक, आरोग्यवृत्त आणि योग विभाग, राष्ट्रीय आयुर्वेद संस्था, जयपूर आशिले. आकाशवाणी न्यूजकडे उलयताना, डॉ. चतुर्वेदी हाणी योगाचे तत्वज्ञान अस्तित्वात आसा, पुण, त्याचे आचरण तितलेच महत्त्वाचे आसा हाचेर उजवाड घालो.

सलीम

आकाशवाणीचे आदले उर्दू खबरा वाचक सलीम अख्तर हांका आज नवी दिल्लीत काय तेपाच्या दुयेसा उपरांत मरण आयले. ते ७६ वर्षांचे आशिल्ले. सलीम अख्तर हे आकाशवाणीच्या वृत्त सेवा विभागाच्या उर्दू युनिट कडे सुमार २५ वर्षे जोडील्ले

DIP

आदिवासी कल्याण खात्यावतीन इयत्ता 5 वी ते 10 वी मेरेनच्या वर्गात शिकपी अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्य खातीर राज्य पुरस्कृत प्री-मेट्रीक येवजणेची अंमलबजावणी करतले. सरकारान हे येवजणेखाला अर्थिक मजत 20 टक्क्यांनी वाडयल्या. तशेंच वर्सुकी उत्पन्न मर्यादा 3 लाखा वयल्यान 5 लाख केल्या.सुदारीत अर्थिक मजती प्रमाण इयत्ता 5 वी ते 8 वी मेरेनच्या विद्यार्थ्याक वर्साक 4290/- रूपया आनी 9 वी ते 10 वी मेरेनच्या विद्यार्थ्याक वर्साक 4950/- रूपया अर्थिक मजत मेळयली.

तशेंच खात्यान पात्रताय परिक्षेत 50 टक्के आनी त्या वयर गुण मेळोवपी विद्यार्थ्यांच्या गुणवत्ता शिश्यवृत्तीत सुदारणा करून शिश्यवृत्तीच्या रक्कमेत वाड केल्या.

प्री-मेट्रीक शिश्यवृत्ती येवजणे खातीर विद्यार्थ्यांनी मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर ऑनलाइन अर्ज भरपाक जाय.

DIP

दक्षीण गोंय जिलो न्याय दंडाधिकाऱ्यान नावेली मडगांव वेस्टर्न बायपासाच्या अंडरपास जंक्शन सर्व्हिस रस्त्यांचेर कोल्डे वार्ड रस्तो, बेळ्ळे जंक्शन रस्तो, नावेली मुळाव्या भलायकी केंद्रावटेन वचपी सर्व्हिस रस्त्यांचेर स्पीडब्रेकर घालून येरादारीक सुचोवणी दिवपी तकटे लावपाचो आदेश दिला. तशेंच नवेंभाट सारझोरा वाठारांत हम्प प्रकारचो स्पीडब्रेकर घालपाचो आनी गॅबी कॉम्पलेक्स टी जंक्शन ते दोन खुरीस जंक्शन मेरेनच्या रस्त्याचेर वराक 40 कि. मी. वेगमर्यादा सुचीत करपी तकटे लावपाचो आदेश दिला.

बुद्धिबळ

तिसवाडी तालुका बुद्धिबळ संघटनेन गोय बुद्धिबळ संघटनेच्या जोडपालवान गोंय राज्य खुल्या रॅपिड बुद्धिबळ सर्त आयोजीत केल्याा हि सरत 14 आणि 15 जून मजगती पणजीच्या इन्स्टिट्यूट braganja सभागृहीत जातली. सरतीत वाटेकर जावपी इसक खेळगड्यांनी दत्ताराम पिंगे ९८२२९५७२०८ वा अरविंद ह्यांचेकडे संपर्क 12 जून पायली करचो अशें सांगला दनपारा 2.30 वरोचेर सरत सुरु जातली.

वेदर

14 जूनच्या सुमाराक नैरुत्य पावस फुडें वचपाक परिस्थिती अनुकूल आसपाची शक्यताय आसा. उत्तर दर्यादेग आंध्र प्रदेश सावन 5.8 किमी.उंचायेचेर अस्तंत मध्य बंगाल खाडीचेर हवेचें चक्रीवादळ दिसता. गोंयात नैरुत्यनै पावस दुबळो जाला आनी काय सुवातीनी सामको हलको पावस पडलो.चडान चड तापमान 32.6 डिग्री सेलसीयस तर उणयात उणे 27.3 डिग्री सेलसीयस नोंद जाला.मुखवेल्या काय दिसात काय सुवतिनि घोंगयानी पावस पडू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला.

Subash Jan

फाटल्या वर्सा म्हणल्यार शिक्षणीक वर्स २०२४ - २५त ज्या विद्यार्थ्यांनी अिकरावेत प्रवेश घेतिल्लो, तांची म्हायती १५ जून २०२५ मेरेन धाडपाचे निर्देश शालान्त मंडळान उच्च माध्यमीक विद्यालयांक दिल्यात. शालान्त मंडळांच्या पोर्टलार ही म्हायती धाडपाचे निर्देश दिल्यात.

शालान्त मंडळान हे खातीर पोर्टलाचेर खास वेवस्था केल्या. www.gbshse in हे वेबसायटीचेर म्हायती धाडपाची वेवस्था -केली विद्यार्थ्याचें नांव, बापायचें नांव, आवयचें नांव आनी जल्म -तारीख ही म्हायती सादर करची पडडली. १५ जून २०२५ दिसा उपरांत म्हायती धाडपा खातीरची वेवस्था बंद जातली.

२०२४ - २५ वर्सा जांणी इकरावेंत प्रवेश घेतला, ते विद्यार्थी आतां बारावेंत शालान्त मंडळाची परिक्षा दितले. परीक्षे पयलीं तयारी करपा खातीर आनी विद्यार्थ्यांची म्हायती संकलीत करपा खातीर विद्यालय कडल्यान पयलींच म्हायती मागयिल्ल्याचें शालान्त मंडळाचे अध्यक्ष भगिरथ शेट्ये हांणी सांगलां